# मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्याची परबीं

ता. 1 ऑक्टोबर 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दसऱ्याच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयल्यात.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, दसऱ्याच्या शुभ प्रसंगार तुमच्यो सगळ्यो चिंता पयस जाव आनी तुमची जीण खुशालभरीत, भरभराटीची आनी तुमच्या अपेक्षांच्या पुर्ततायेन भरून वचू.

दसऱ्याचो उत्सव देशात व्हडा उमेदीन आनी धार्मिक भावनेन मनोवपात येता. दसरो हो सद्‌गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या ईश्वरी जैताचे प्रतिक आसा. हो उत्सव श्रीरामान रावणाचेर आनी दुर्गामाता देवीन महिशासूर राक्षसाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा आनी आमकां सत्य, धैर्य आनी सद्‌गुणाच्या मार्गार चलपाची प्रेरणा दिता.

"माँ दुर्गा आनी भगवान श्री राम हांच्या आशीर्वादान तुमी सगळ्यांनी जीणेच्या प्रत्येक क्षेत्रात जैत मेळोवचे अशी म्हजी इत्सा आसा. हो दसरो तुमच्या कुटुंबात मोग, खुशालकाय आनी शांतीकाय घेवन येव. सद्‌गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर जैत मेळोवपाचो हो सण आसा. ह्या उत्सवातल्यान सद्‌बुद्दी, नैतिकता आनी बऱ्या मार्गाचेर चपाची प्रेरणा घेवया".

प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांच्या विकसित भारत 2047 च्या दिश्टीकोना कडेन सुसंगत रावन आमी “स्वयंपूर्ण गोंय” चे उद्दीश्ट पुरण करून गोंयची भरभराट करूया.

दसऱ्याचो उत्सव आमी एकजूट, खुशालकाय आनी नव्या आशेन मनोवया. दसऱ्याचो सण प्रत्येकाच्या जीणेत चड शांतीकाय, खुशालकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/803

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.